*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*<u>सरकारी पत्रक</u>*

**<u>मुख्यमंत्र्याकडल्यान उच्च न्यायालय इमारत प्रकल्प बांदकामाची पळोवणी</u>**

ता. 8 नोव्हेंबर 2019

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी पर्वरी हांगा चालू आशिल्ल्या मुंबय उच्च न्यायालयाच्या गोंय खंडपीठाच्या नव्या इमारत प्रकल्पाच्या बांदकामाची पळोवणी केली. ह्या प्रकल्पाचे बांदकाम 31 मार्च 2020 मेरेन पुराय करपाची मोख थारायिल्ली आसून आता मेरेन 80 टक्क्या परस चड बांदकाम पुर्ण जाल्ले आसा. प्रकल्पाच्या अंतर्गत सजावटीचे उरिल्ले 20 टक्के काम रोखडेंच पुर्ण करतले, अशें मुख्यमंत्री डॉ. सावंत हांणी प्रकल्पाच्या बांदकामाची पळोवणी केले उपरांत सांगले. प्रकल्पातल्या लँडस्केपिंग कामाची निविदा रोखडीच काडटले, अशींय म्हायती मुख्यमंत्र्यान ह्या वेळार दिली.

गिमाळ्याच्या सुटयेत न्यायालयाचे कामकाज बंद आसता तेन्ना न्यायालयाचे स्थलांतर नव्या इमारतीत करप योग्य थारतले, अशें अधिकाऱ्यांनी हे वेळार सूचयले.

गोंय साधनसुविधां विकास महामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक श्री. श्रीनेत कोठावळे आनी हेर अधिकारी हे वेळार उपस्थित आशिल्ले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/783

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.

THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,

NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA